गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

## ज्येश्ठ नागरीकांचो सांबाळ आनी कल्याणकारी कायद्याचेर जागृताय करपाचो निर्णय

ता. 17 ऑगस्ट 2019

दक्षिण गोंय जिल्होधिकाऱ्याच्या अध्यक्षतायेखाला जाल्ल्या पालक आनी ज्येश्ठ नागरीक सांबाळ आनी कल्याणकारी कायदो2007 आनी गोवा नियम 2009 च्या दक्षिण गोंय जिल्हा अंमलबजावणी समितीच्या बसकेत सर्वसामान्य लोकांच्या माहिती खातीर ज्येश्ठ नागरीक कायदो आनी हक्कांविशीं जागृताय करपाचो निर्णय घेतला.

ह्या कायद्यातल्या तजवीजे प्रमाण साठ वर्सा वा त्यावयल्या पिरायेची जी ज्येश्ठ व्यक्ती वा पालक आपल्या स्वताच्या मिळकतीचेर वा येणावळीचेर आपलो सांबाळ करपाक असमर्थ आसा अशी ज्येश्ठ व्यक्ती वा पालक सांबाळ आनी देखभालीखातीर अर्ज करपाक पात्र आसा.

राज्य सरकारान स्थापन केल्ल्या देखभाल लवादामुखार असो अर्ज करपाक जाय. गोंय सरकारान संबंदीत उपजिल्होधिकाऱ्याच्या फुडारपणाखाला प्रत्येक उपविभागांत देखभाल लवादाची स्थापणूक केल्या. सांबाळ वा देखभाल अर्ज ज्येश्ठ नागरीक/ पालक वा तो/ती असमर्थ आसल्यार कोणीय हेर व्यक्ती वा अर्जदारान परवानगी दिल्ली नोंदणीकृत संस्था करपाक शकता वा लवाद सु-मोटो दखल घेवपाक शकता.

ह्या कायद्याच्या उपकलम-17 प्रमाण खंयच्याय पक्षाक वकीलाची मदत घेवपाक मेळना. पुण पालक वा ज्येश्ठ नागरीक जाय जाल्यार राज्य सरकारान नियुक्त केल्ल्या देखभाल अधिकाऱ्याची मदत घेवपाक शकता. सरकारान समाज कल्याण खात्याच्या सहाय्यक संचालकांची दक्षिण आनी उत्तर गोंया खातीर देखभाल अधिकारी म्हुण नियुक्ती केल्या.

लवादान देखभाल अर्ज 90 दिसाभितर निकालात काडपाक जाय. पुण कांय अपवाद आसल्यार चडातचड आनीक 30 दिसांचो काळ वाडोवन घेवक शकता. लवाद दर म्हयन्याक चडातचड धा हजार रूपया मेरेन सांबाळ वा देखभाल भत्तो दिवपाचो आदेश दिवपाक शकता.जर एखाद्या ज्येश्ठ व्यक्तीक वा पालकाक लवादाकडल्यान योग्य न्याय मेळूक ना अशें दिसता आसत जाल्यार तो वा ती अपेलेट लवादाकडेन अर्ज करपाक शकता. राज्य सरकारान जिल्हाधिकाऱ्याच्या अध्यक्षतायेखाला प्रत्येक जिल्ह्याखातीर अपेलेट लवादाची नेमणूक केल्या.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/511

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA